**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं</u>**

ता. 30 डिसेंबर 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं भेटयल्या. नवें वर्स प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, बरी भलायकी आनी भरभराट घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

प्रत्येक नवें वर्स हे आमकां आमी फाटल्या वर्सा केल्ल्या प्रगतीकडेन वळून पळोवपाक आनी नव्या वर्सात नवीन संकल्प करपाची संद दिता. सरकार लोकांच्या कल्याणाखातीर विंगड विंगड येवजणांची अंमलबजावणी करता. गोंय राज्याक स्वयंपुर्ण करपा खातीर सरकार नेटान प्रयत्न करता. नव्या वर्सातय राज्याची सगळ्या मळार प्रगती करपाचो निर्धार सरकारान केल्लो आसा.

गोंयच्या समस्त लोकांनीय नवें हावेस आनी अपेक्षा घेवन नव्या वर्साक येवकार दिवचो आनी फुडल्या उदरगतीची उद्दीश्टां पुर्ण करपा खातीर प्रयत्न करचें, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/973

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.